**पणजी म्हापालिका वेंचणूक मुक्त आनी शांतीकायेच्या वातावरणात घेवपा खातीर निर्देश**

ता. 4 मार्च 2026

पणजी म्हापालिकेच्या वेंचणूके खातीर 16 फेब्रुवारी सावन आचारसंहिता लागू जाल्ली आसून वेंचणूक मुक्त, सुरळीत आनी शांतीकायेच्या वातावरणात घेवपा खातीर वेंचणूक आयोगान सगळें राजकीय पक्ष, वेंचणूकेक उभे राविल्ले उमेदवार, अधिकृत एजंट, स्टार प्रचारक, उमेदवारांक आपलो तेंको दिवपी आनी लोकांनी आचारसंहितेच्या नेमांक पाळो दिवपाचो आदेश दिला.

निर्वाचन अधिकाऱ्याच्या पुर्व लेखी परवानगी बगर आचारसंहिता लागू आशिल्ल्या पणजी म्हापालिकेच्या वाठारांत भौशीक सभा, रॅली, रोडशो, पदयात्रा, कोनसो बसका, वाहनांची रॅली, राजकीय विशय आशिल्लो सांस्कृतीक कार्यक्रम वा लोकांची गर्दी आशिल्लो खंयचोय हेर कार्यक्रम आयोजीत करचो न्हय. परवानगी घेवपा खातीर अर्जात सुवात, थळ, तारीख, वेळ, मिरवणूक आसल्यार मार्गाचो आराखडो, लोकांची अपेक्षीत उपस्थिती आनी लाऊडस्पिकर वाहनांचो तपशील स्पश्टपणान दिवपाक जाय. लाऊडस्पिकर वापरा खातीरय पुर्व लेखी परवानगी घेवपाक जाय आनी ध्वनी प्रदुशणाच्या नेमांक पाळो दिवपाक जाय. आचारसंहिता नेमांचे उल्लघन जाल्यार दिल्ली परवानगी रद्द जातली. तशेंच आचारसंहिता नेमांचे उल्लघन जाल्यार कायदेशीर कारवाय जातली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/157

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.